Panaji Regional 26th August 2025 7.20pm

PM – 115

भारताच्या मेक इन इंडिया प्रवासात एक नवो अध्याय जोडता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां. मेक इन इंडिया आनी मेक फॉर द वर्ल्ड ह्या राष्ट्रीय ध्येयांत आयज म्हत्वाचो दीस अशें तांणी सांगलें. गुजरातांतल्या टीडीएस लिथियम आयन बॅटरी प्लांटांत हायब्रीड बॅटरी इलॅक्ट्रोडांचें उत्पादनाचो शुभारंभ केल्या उपरांत तांणी उपस्थितांक उद्देशून उलोवप केले. हो प्रसंग भारत आनी जपान हांचे मदल्या इश्टागतींत नवो आयाम जोडटलो अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

भारत आनी जपान हांचे मदल्या वाडत्या भागीदारीचो उल्लेख प्रधानमंत्र्यांनी केलो. 2047 मेरेन भारताच्या आत्मनिर्भर जावपाच्या प्रवासांत जपान एक मुखेल उदरगत भागीदार आशिल्ल्याचे तांणी परत एकदा अधोरेखित केले. भारता कडेन लोकशायेचे बळगें, काम करपी तरणाट्यांची व्हड प्रमाणांत  संख्या आनी कुशळ कामगारांची व्हड संख्या आसा अशें मोदी हांणी सांगलें.

Sushant - 135

केंद्र सरकारची जल जीवन अभियान येवजण दक्षिण गोंयांत प्रभावीपणा चालीक लावपाखातीर दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लीट्स हांणी फुडाकार घेतला. तांच्या अध्यक्षतेखाला काल हेविशीचो नियाळ घेवपाखातीर पयली म्हयन्याळी बसका जाली. हे बसकेंत जिल्ह्यातल्या

दरेका गांवांत ‘गांव उदक आनी नितळसाण समिती’ स्थापन करपाचो निर्णय घेतलाे.
हे बसकेत जिल्होधिकारी एग्ना क्लीट्स हांचेसयत अतिरिक्त जिल्लोधिकारी रमेश गांवकार, जिल्लो उदका आनी नितळसाण समितीचे वांगडी सचीव नारायण एस आनी हेर खात्याच्या अधिकाऱ्यांचो समावेश आसलो.

जिल्ह्यात बरेतरेन उदकाची पुरवण आनी उदकाचो दर्जो तिगोवन दवरपा खातीर हे बसकेंत वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा जाली. शारांत आनी गांवगिऱ्या वाठारांनी उदका पुरवण संचालन आनी देखरेखी संबंदी राज्यांत जल जीवन अभियान चालीक लावपाचो नियाळ घेतलो. शेतकी चांचणी किट वापरून उदकाच्या दर्ज्याची चांचणी करपा खातीर दरेका गांवांत जल जीवन मिशन आनी स्वच्छ भारत मिशन ग्रामीण खातीर ‘गांव उदक आनी नितळसाण समिती’ स्थापन करपाचो हेतू आशिल्ल्याचे ह्यावेळार स्पष्ट केले.

Wheat – 55

एकंदर अन्न सुरक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर आनी साठेबाजी टाळपा खातीर सरकारान गंवाचेर सांठो मर्यादा घाल्या. ही मर्यादा सगळ्या राज्यांनी आनी संघ प्रदेशातल्या वेपारी, ठोक विक्रेत्यांक आनी किरकोळ विक्रेत्यांक लागू जातली. वेपारी आनी ठोक विक्रेत्या खातीर आशिल्ली स्टॉक मर्यादा तीन हजार मेट्रीक टनांतल्यान दोन हजार मेट्रीक टन मेरेन उणी केल्या अशें गिरायक वेव्हार मंत्रालयान सांगलां.

Prasad – 110

फाल्या गोयकरांचो प्रिय दैवत विघ्नहर्ताचो गणरायाचे आगमन जावपाचे आसा आनी ह्या निमतान फोंडाचो बाजार सजवटीच्या वस्तूंनी सजला. आज तय तर फल्या 27 ऑगस्ट बुधवार सावन गणेशोत्सव सुरू जाता. बुध्दीदाताच्या आगमनाचे खातिर बाजारांत   फेटे, मांळा, हार, किरीट, फुलांची माळ अशो जायत्यो वस्तू बाजारांत आयल्यात. पंदरा दिसां आदीं मकर मंडपा सयत सजावटीचीं वस्तू बाजारांत आयिल्लीं. आतां जायते लोक खरेदी करपा लागल्यात. सजवटीच्या वस्तूं मदीं वाटकुळीं लेडी माळ, लटकन, रिंग माळ गोयकरांचे लक्ष ओढून घेतात . भगवान गणेशाची सोबीतकाय वाडोवपी रुद्राक्ष माळ अंदू पांच इंच आनी स इंच आकारांत आयल्यात. तशेच अंदू थर्मोकोल सोडून, लांकडी मकर , फोम आनी पर्यावरणाक अनुकूल अशीं वस्तू बाजारात मेळटात. बाणास्तरचो बाजारात मांटोली सामान घेवपाक लोकांनी गर्दी केल्ली.

Ganesh – 100

भाद्रपद शुद्द चतुर्थी दिसा दर वर्सा हेर भागा प्रमाण गोंयातूय गणपतीचे पूजन जाता. पुराय गोंयकारांचे लाडके दैवत आशिल्ले गणपतीचे पूजन फाल्या घरा घरांनी जातलें. गणपतीची मूर्ती हाडपा सयत माटोळी तशेच हेर तयारी मंगळारा सगळ्याक सुरू आशिल्ली. चवथीक लागून बाजारात गर्दी जाल्या. पावसाक लागून खरेदीक आडखळी येतात. मात चवथीक लागून लोकांची खरेदीची उमेद मातूय उणी जावंक ना. गोंयांत देड, पाच, सात दिसांचे गणपती आसतात. घराघरांनी गणपती पूजपा सयत मुखेल शारांनी सार्वजनीक गणपती पूजतात. सार्वजनीक गणपती मुखार जावपी कार्यावळी आनी देखावे हे एक मुखेल आकर्शण आसता. फाल्या सकाळी गणपतीचे पूजन केले उपरांत राज्यात पाच ते सात दिस चवथीक लागून उमेदीचे वातावरण आसतले.

Governor  - 65

गोंयचे राज्यपाल पी.अशोक गजपती राजू हांणी चवथीच्या शुभ निमतान गोंयच्या लोकांक काळजा थावन परबीं दिल्यांत. आपल्या संदेशांत राज्यपालानि म्हणलें, “हो  पवित्र सण दरेका घरात आनंद, सुसंवाद आणि समृद्धी घेवन येव. राज्यपालान मुखार म्हणलें, गोंयांत चवथीचो

सण हो फकत उत्सवा परस चड आसा. हो आमच्या सांस्कृतीक दायजाचो आनी कुटुंबीक बंधनांचो उत्सव. माटोळीच्या प्रदर्शनां सावन पारंपारीक गोड पदार्थ आनी प्रार्थने मेरेन तो पिढ्यान पिढ्या सगळ्याक भक्ती आनी खोशीन एकठांय हाडटा.

CM – 180

गोंयकारांची उर्बेउमेदिची परब आशील्ल्या चवथीचे परबेच्या शुभ म्हुर्तार मुखेलमंत्री दो.प्रमोद सावंत हाणी गोंयकारांक परबी भेटयल्या.मुखेलमंत्र्यानी लोकांक पर्यावरणपुरक आनी समृध्द गणेशोत्सव मनोवपाक आवाहन केलां.लोकांक चवथीचे परबेची परबी दितना मुखेलमंत्र्यानी आपल्या संदेशांत ,चवथ ही सगळ्यांत म्हत्वाची अशी परब आसून ती व्हड उर्बेउमेदीन आनी खोश्येन मनयतात.चवथीनिमतान पुजेक लायतात ती गणेश देवता ही मार्गदर्शक,संरक्षक आनी मनशाचे जिणेतल्यो आडमेळी पयस करपी देवता आसा.गणपती बाप्पा गिन्यानाचें,विध्येचें,धार्मिकताय आनी सौभाग्यतायेचें मूर्त स्वरुप आसा,तशेंच भक्तांच्या काळजांत खाशेली सुवात आसा.गणपती बाप्पाक विध्नहर्ता मंगलमुर्ती आनी आध्यगुरु मानतात.अशें मुखेलमंत्र्यानी म्हळां.चवथीची परब लोकांचे जिणेंत नवी आशा आनी उपाट खोशेचो उजवाड परजळायता.हे परबे निमतान कुटुंबातलीं सगळिं मनशां आनी सोयरीक धायरी एकठांय येतात आनी देवा गणपतीची पुजा भावार्थान व्हड उमेदीन खोश्येंत मनयतात.चवथीची परब मनशाक सैमाची राखण करपाक उर्बा दिता.अशेंय मुखेलमंत्र्यानी आपल्या संदेशांत म्हळां.गणपती बाप्पाच्या आशिर्वादान गोंय राज्य आडमेळिंचेर मात करुन सगळ्या मळांनी समृध्द जांव.हे परबेवेळार आमी सगळे एकवटीत पणान विकसीत गोंय करपाक सोपूत घेवया.विकसीत गोंय २०३७ आनी विकसीत भारत २०४७ खातीर आमी योगदान दितना राज्याचें उदरगतीच्यो कार्यावळी असोच चालू उरू अशी आमी प्रार्थना करुया अशें मुखेलमंत्र्यानी आपल्या संदेशांत म्हळां.गणपती बाप्पान गोंयांक आनी देशाक शांती उदरगत आनी समृध्दिच्या मार्गार व्हरू अशें मुखेलमंत्र्यानी आपल्या संदेशांत मागलां.